Panaji National 20th May 2025 8.40am

Amit Shah OCI – 90

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी काल नवी दिल्लींत नव्या ओव्हरसीज सिटीजन ऑफ इंडिया (OCI) पोर्टलाचें उक्तावण केलें. नवे पोर्टल सध्याच्या पन्नास लाखा वयर OCI कार्डधारकांक आनी नव्या वापरप्यांक सुधारित कार्यक्षमता आणि वापरकर्ता-अनुकूल अनुभव प्रदान करतले. ह्या वेळार गृहमंत्र्यानि सांगलें, भारत ओसीआय. कार्डधारकांक संवसारीक पांवड्यावेली इमिग्रेशन सुविधा दिवपाचो सतत यत्न करता.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नव्या ओव्हरसीज सिटीजन ऑफ इंडिया पोर्टलाची (OCI) तोखणाय केल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, प्रगत वैशिष्ट्यांसह आनी सुदारीत कार्यक्षमते संयत नवे ओसीआय पोर्टल हे नागरिक अनुकूल डिजिटल शासनाक चालना दिवपाचे दिकेन एक मोठे पावल आसा.

Bhujbal – 25

राष्ट्रवादी काँग्रेस पक्षाचे वरिश्ठ फुडारी छगन भुजबळ हांचो आयज महाराष्ट्र मंत्रीमंडळांत आस्पाव जातलो. राज्यपाल सीपी राधाकृष्णन सकाळीं 10 वरांचेर मुंबयत राजभवनांत तांकां पद आनी गुप्ततायेचो सोपूत दितले

Jaishankar – 65

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी नेदरलँड्सतल्या हेग शारांत डच परराष्ट्र मंत्री कॅस्पर वेल्डकॅम्प हांची भेट घेतली. दोनूय देशांची द्विपक्षीय भागीदारी आणि युरोपियन युनियनाकडेन संबंध वाढवपाचेर तांणी व्यापक चर्चा केली अशे सोशल मीडियार केल्ल्या पोस्टत डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हळें. पहलगाम हल्ल्याचो नेदरलँडने खर निषेध केल्याबद्दल आणि दहशतवादा आडच्या शून्य सहनशीलतेच्या समर्थनाबद्दल तांणी तांचे कौतुक केले. विदेश वेव्हार मंत्री नेदर्लंड्स, डेन्मार्क, जर्मनी ह्या देशांच्या स दिसांच्या भेटेर आसात.

Shivraj ICAR – 115

केंद्रीय शेती मंत्री शिवराज सिंग चौहान आज नवी दिल्लींत शेतकी विद्यापिठांचे कुलगुरू आनी भारतीय शेतकी संशोधन मंडळ-आयसीएआर संस्थांच्या संचालकांच्या वर्सुकी परिशदेचें उक्तावण करतले. परिशदेचो विशय आसा - अनुकूलनाखातीर कृती २०४७ त विकसित भारताखातीर कृषी संशोधन, शिक्षण आणि विस्ताराक आकार दिवप. ह्या काऱ्यक्रमांत चौहान भारताच्या दीर्घकालीन उदरगती खातीर राष्ट्रीय शेतकी संशोधन प्रणालीची पुनर्कल्पना ह्या विशयाचेर उंचेल्या पांवड्यावेल्या पॅनलाचेय अध्यक्षपद सांबाळटले. शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणलां, ह्या कार्यावळींत प्रमुख धोरणकर्ते, विचारवंत आणि शैक्षणिक तज्ञ शिक्षणीक तज्ञ एकठांय येवन देशाच्या शेतकी नवनिर्माण पर्यावरण

प्रणाली घटमूट करपा खातीर गरजेच्या धोरणात्मक सुदारणां विशीं चर्चा करतले. तशेंच ह्या कार्यावळीक नुस्तेमारी, पशुपालन आनी दुग्ध मंत्री राजीव रंजन सिंग आनी शेतकी आनी शेतकार कल्याण राज्यमंत्री भागीरथ चौधरी हाजीर आसतले.

Shivraj Indus Treaty –120

सिंधू उदका कबलात स्थगित केल्ल्यान जम्मू-काश्मीर, राजस्थान, हरियाणा, पंजाब आनी हिमाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांतल्या शेतकारांक मोटो फायदो जातलो अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी काल स्पश्ट केलें. नवी दिल्लींत देशभरांतल्या शेतकारांच्या वेगवेगळ्या पंगडां कडेन संवाद सादतना मंत्र्यांनी अशें सांगलें. फुडाराक ह्या उदकाच्या वापराचेर एक व्यापक रणनिती तयार करतले, जाका लागून सगळ्यांक चडांत चड फायदो मेळटलो अशें चौहान हांणी सांगलें. चौहान हाणी सिंधु उदका कबलात स्थगीत करप हो इतिहासीक निर्णय अशें म्हणलां.

तशेंच केंद्रीय मंत्र्यांनी शेतकार पंगडांच्या प्रतिनिधीं कडेन संवाद सादलो आनी सिंधू उदका कबलातीचेर तांच्यो सुचोवण्यो घेतल्यो.

विकसीत शेतकी संकल्प अभियान ही देशव्यापी मोहीम ह्या म्हयन्याच्या 29 तारखे सावन सुरू जातली आनी ती 12 जून मेरेन चालू उरतली अशें चौहान हांणी पत्रकार परिशदेंत उलयतना सांगलें.

VP Goa – 100

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर आयच्यान तीन दिसांच्या गोय भेटेर येतले. ह्या भेटी वेळार धनखर फाल्या मुंगांव बंदराक भेट दितले, थंय बंदराचे नवे प्रकल्प देशाक समर्पित करतले आनी मुंगांव बंदर प्राधिकरणाच्या वरिश्ठ अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. बंदरात आशिल्ल्या भारतीय तटरक्षक दलाच्या जहाजावेल्यावरीष्ठ अधिकाऱ्यां बरोबरय उपराष्ट्रपती संवाद साधतले.

बिरेस्तारा धनखर भारतीय कृषी संशोधन संस्थेच्या (आयसीएआर) - केंद्रिय किनारपट्टी कृषी संशोधन संस्थेक (सीसीएआरआय) भेट दितले आनी थंय ते प्राध्यापक आनी शास्त्रज्ञां बरोबर चर्चा करतले.

ते राजभवनाक भेट दितले. राज भवन परिसरात ते चरक आणि सुश्रुत हांच्या पुतळ्यांचें अनावरण करतले. चरकांच्या आयुर्वेदातल्या आणि सुश्रुतांच्या शस्त्रक्रियाच्या मळार केल्ल्या योगदानाच्या सन्मानार्थ हे पुतळे उभारल्यात.

FS Briefing –85

परराष्ट्र सचिव विक्रम मिस्री हाणी काल संसदीय स्थायी समितीक भारत आणि पाकिस्तानच्या संदर्भात सध्याच्या परराष्ट्र धोरणातल्या घडामोडींबद्दल माहिती दिली. सूत्रांनी दिल्ल्या माहिती प्रमाण तांणी काँग्रेस खासदार शशी थरूर हांच्या अध्यक्षतेखालच्या समितीक ऑपरेशन सिंदूर आनी उपरांत पाकिस्ताना बरोबरच्या संघर्ष विरामच्या घोषणेबद्दल माहिती दिली. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत आनी पाकिस्तान आनी पाक व्याप्त जम्मू-काश्मीरांतल्या आतंकवादी शिबिरां आड भारताच्या प्रत्युत्तर कारवाये उपरांत पराश्ट्र धोरणांतल्या घडामोडीं विशीं पयलेच खेपे एका वरिश्ठ सरकारी अधिकाऱ्यान संसदीय पॅनेलाक म्हायती दिल्या.

उपरांत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना थरूर हांणी सांगलें, बसकेक हाजीर राविल्ल्या स्थायी समितीच्या 24 वांगडया बरोबर खूब व्यापक, समृद्ध आनी सविस्तर चर्चा केली.

**TRUMP-CEASEFIRE - 115**

रशिया आनी युक्रेन  झुजबंदी आनी गैरर सोंपपाच्या शक्यते विशी थेट उलोवणी सुरू करतले अशें अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी जाहीर केलां. रशियेचो राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हांचे बरोबर दोन वरां फोनाचेर संवाद सादल्या उपरांत ट्रम्प हांणी ही घोशणा केल्या.

पुतिन हाणी पुष्टी केली की मॉस्को युक्रेन बरोबर संभाव्य शांतता कराराचेर काम करपाक तयार आसा. उलोवणी योग्य मार्गार आसात अशें तांणी सांगले.

चालू आशिल्ल्या संघर्शा मदीं "शांती" खातीर सगळ्यांत प्रभावी मार्ग वळखुपाची गरज आसा हाचेर रशियन राष्ट्राध्यक्षन भर दिलो. युक्रेनचो राष्ट्राध्यक्ष व्होलोडिमिर झेलेन्स्की हांणी एका निवेदनांत म्हणलां की युक्रेन रशिये कडेन तुर्की, स्वित्झर्लंड किंवा वा व्हॅटिकनांत शांतताय उलोवणी करपाक तयार आसा.तांणी पुराय आनी बिनशर्त युद्धविराम करपाचो उलो मारलो आनी युक्रेन खरे निर्णय घेवपाक तयार आसा हाचेर भर दिलो.

IMD – 55

हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांक कर्नाटकात उटनगराच्या पावसाचो  ऑरेंज अलर्ट जारी केला. फुडल्या तीन दिसांत कर्नाटक आनी तमिळनाडू, कोंकण, गोंय आनी महाराष्ट्रांतल्या लागसारच्या वाठारांनी घोग्यांनी ते अति मुसळधार  पावस पडपाचो रेड अलर्ट जारी केला. फाल्यां सावन मुंबयंतूय मध्यम ते घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना हवामान खात्याचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ आर.के. जेनामानी हांणी सांगलें.

Khelo India – 40

खेळां मंत्री मनसुख मांडाविया हांणी काल दिवांत घोघला प्रायेर खेळो इंडिया बीच गेम्साचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार उलयतना मांडाविया हांणी 2047 मेरेन खेळां महाशक्त जावपाच्या भारताच्या वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केलो. हातूंत 30 वयर राज्यां आनी केंद्रशासीत प्रदेशांतले 1,350 वयर खेळगडे वांटो घेतले.

IPL – 40

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल रातीं लखनौंत जाल्ल्या खेळांत सनरायझर्स हैदराबादान लखनौ सुपर जायंटसाक 6 विकेटींनी हारयलो. हे हारीक लागून लखनौ सुपर जायंटाचे सर्तींतले आव्हान सोपले.

आयज दिल्लीत अरुण जेटली स्टेडियमाचेर चेन्नय सुपर किंग्स राजस्थान रॉयल्स आड खेळटले. सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.